# <u>राश्ट्रीय खबरो, १९ जानेवारी २०२५, सांजेची ६.३० वरां.</u>

**पीएम - मन की बात**

भारत आपल्या तेजस्वी  आनी अभिनव विज्ञनिकांक लागून अंतराळ तंत्रगिन्यान मळार नवे मापदंड थारायता. जाणें करून  फुडल्या आव्हानांक उपाय  उपलब्ध जातले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.  आयज आकाशवाणीच्या मन  की बात कार्यावळीच्या 118व्या भागांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी देशान हालींच अंतराळ मळार केल्ल्या कामगिरीची तोखणाय केली.

देशांतलो पयलो खाजगी उपग्रह पुंज-फायरफ्लाय येसस्वीपणान प्रक्षेपण केल्ल्यान बेंगळुरूंतल्या अंतराळ स्टार्टअप पिक्सेल कंपनीची प्रधानमंत्री  मोदी हांणीं तोखणाय केली. हें येस  आत्मनिर्भरतायेचें म्हत्वाचें पावल आसा अशें प्रधानमत्र्यांनीं सांगलें. आधुनीक अंतराळ तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारताची मुखेल सुवात दिसून येता आनी अंतराळांतल्या  खाजगी मळाची  तांक आनी नवकल्पना दाखयता अशें तांणी सांगलें.

तशेंच 75व्या प्रजासत्ताक दिसाचे फांटभुयेर प्रधानमंत्र्यानीं  लोकांक आदींच परबीं दिल्यांत. संविधानाची अंमलबजावणी जावन 75 वर्सां

पुराय जाल्ल्यान ह्या वर्साच्या प्रजासत्ताक दिसाक खाशेलें म्हत्व आसा अशें तांणी सांगलां.

बाबा साहेब आंबेडकर, डॉ राजेंद्र प्रसाद आनी डॉ श्यामा प्रसाद मुखर्जी सयत संविधान सभेच्या सगळ्या वांगड्यांक प्रधानमंत्री मोदी हांणी नमन केलां. ह्या व्हड फुडाऱ्यांच्या विचारांतल्यान देशांतल्या लोकांनी प्रेरणा घेवची अशें तांणी सांगलें.

25 जानेवारी हो राष्ट्रीय मतदार दीस असोय उगडास तांणी प्रेक्षकांक केलो. संविधानांत वेंचणूक आयोगाक आनी लोकशायेंत लोकांच्या सहभागाक व्हड म्हत्व दिला आनी फाटल्या दशकांत देशाची लोकशाय बळिश्ट आनी गिरेस्त जाल्या अशें तांणी सांगलें. वेंचणूक आयोगान तंत्रगिन्यानाचो वापर करून लोकशाय घटमूट केल्या अशें सांगून नागरिकांनी लोकशाय प्रक्रियेचो एक भाग जावचो आनी वेळोवेळ मतदानाचो हक्क वापरून ती घटमूट करची अशें आवाहन केलें.

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत चालू आशिल्लो महाकुंभ मेळो हो एकचाराची नदर निर्माण करपी महाकुंभ अशें तांणी सांगलें. अंदूच्या कुंभ मेळ्याक तरणाट्यांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेतिल्ल्याचो उल्लेख करून तांणी समाधान उक्तायलें. डिजिटल माध्यमांतल्यान हो कुंभ

मेळो संवसारीक पांवड्यार लोकप्रिय जावपाक लागला आनी दरेका भारतीयाक ताचो अभिमान आसा अशें तांणी सांगलें.

कांय दिसां आदीं स्टार्टअप इंडिया येवजणेक 9 वर्सां पुराय जाल्यात असो उगडास प्रधानमंत्र्यानीं  करून दिलो. ह्या काळांत देशांत तयार जाल्ले अर्द्या परस चड स्टार्टअप दुसऱ्या आनी तिसऱ्या श्रेणीच्या शारांनी आसात, हाचे वयल्यान आमची स्टार्टअप संस्कृताय फकत व्हडल्या शारांनी मर्यादीत ना हें दिसून येता.

नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांचो जल्मदीस 23 जानेवारीक आमी परक्रम दिस म्हणून मनयतले असो उगडास प्रधानमंत्र्यांनीं प्रेक्षकांक केलो.

## **महाकुंभ मेळो**

प्रयागराजांतल्या महाकुंभ मेळ्याच्या वाठारांतल्या सॅक्टर एकोणीसांत आयज उजो लागलो आनी पयस मेरेन धुंवराचे लॉट दिसून येताले. हे घडणुकेंत एकटो जखमी जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या आनी ताका हॉस्पिटलांत धाडला. प्रशासना वतीन मजत आनी बचाव कार्य सुरू आसा.  तंबूंत रांदतना हो उजो लागलो अशें म्हण्टात.

**दिल्ली विधानसभा**

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्जांचीं छाननी काल जाल्ली, तातूंतले 1 हजार 40 अर्ज पात्र थारले अशी म्हायती वेंचणूक आयोगान दिल्या. दिल्ली विधानसभेंत वट्ट 70 जाग्यां खातीर वट्ट 1 हजार 521 उमेदवारांनी अर्ज दाखल केल्ले. अर्ज फांटी घेवपाची मुजत फाल्यां सोंपता.

**गाझा**

गाझा हांगा इझ्राएल आनी पॅलेस्टायन आतंकवादी संघटना हमास हांचे मदीं केल्लो युद्धविराम आयज थळाव्या वेळा प्रमाण सकाळीं सवा इकरा वरांचेर लागू जालो. युध्दविराम थारायिल्ल्या वेळा परस तीन वरांनीं उसरांच सुरू जालो . मध्यस्थ कतारान युद्धविराम सुरू जाल्ल्याची खात्री केल्या आनी सुरवातीक तीन परकी नागरिकांची सुटका जाल्या.

करारा प्रमाण सोडपाच्या बंदिस्तांची वळेरी आपल्याक मेळ्ळया. सुरक्षा अधिकारी ताचो तपशील तपासतात अशें इझ्राएलाच्या प्रधानमंत्र्यांनीं सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून सांगलां.

झुजान त्रास जाल्ल्या ह्या वाठारांत उत्सवाचें वातावरण आसा आनी कांय पॅलेस्टायन लोक आपल्या घरा परतूपाक लागल्यात अशें प्रसार माध्यमांतल्यान कळटा.